१९-०३-२०२५

सकाळी : ८.४०

राश्ट्रीय खबरो :

मुखेल खबरो :

- आंतरराष्ट्रीय अंतराळ स्थानकात आडकून उरील्ले अंतराळवीर सुनीता विल्यम्स आनी बुच विल्मोर 9 म्हयन्याउपरात  आयज परतून धरतरेर पावले.

- विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी काल ब्रिटनच्या राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार जोनाथन पॉवेल हांची भेट घेतली.

- रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी भारतीय रेल्वेक आधुनिक, कार्यक्षम आनी पर्यावरणीयनदरेतल्या शाश्वत येरादारी व्यवस्था करपाच्या सरकारची वचनबद्धताय परतून उलोवन दाखयली.

- इस्रायलचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतान्याहू हांणी हमासआड परतून झूंज सुरू केल्याची पुष्टी केल्या.

- खेलो इंडिया पॅरा गेम्स - २०२५ चे गान, शुभंकर आनी लोगोचे काल नवी दिल्लीत अनावरण केले. फाल्यासावन नवी दिल्लीत हे खेळ जातले सुरु.

सुनीता विल्यम्स - ८०

अंतराळवीर सुनीता विल्यम्स आनी बुच विल्मोर आयज सकाळी स्पेसएक्स क्रू ड्रॅगान अंतराळयानातल्यान धरतरेर परत आयले. तांचें स्पेसएक्स कॅप्सूल पॅराशूट

मेक्सिकोच्या आखातांत भितर सरलें. फ्लोरिडा पहँडलातल्या टालाहासीच्या दर्यादेगलागसार स्प्लशडावन जाले, आनी तेचबरोबर फाटल्या 9 म्हयन्यासावनची ह्या दोनूंय अंतराळवीरांची अग्निपरीक्षेचा सोपली. हाचे वांगडाच अंतरिक्षयात्र्यांमदी नासाचो निक हेग आनी रशियन अंतरिक्षयात्री अलेक्झांडर गोर्बुनोव हांचे वांगडा स्पेसएक्साच्या क्रू-9न आपलो प्रवास पुराय केलो. विल्मोर आनी विल्यम्स फाटल्या वर्षी जूनसावन आंतरराष्ट्रीय अंतराळ स्थानकात आशिल्ले. दोगांय अंतराळवीर 286 दीस अवकाशांत रावले, जे अपेक्षा परस 278 दीस चड आशिल्ले.

जयशंकर - ११०

विदेश वेव्हार मंत्री डॉ एस जयशंकर हांणी काल ब्रिटनच्या राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार - एन.एस.ए. जोनाथन पॉवेल हांची भेट घेतली. दोनूंय फुडा-यांनी द्विपक्षीय, प्रादेशिक आनी जागतिक सुरक्षा मुद्द्यांचेर चर्चा केली. जयशंकर हांणी नेपाळ, थायलंड, लक्झेंबर्ग, लाटविया आनी मालदीवसयत वेगवेगळ्या देशांतल्या तांच्या समपदेस्तांवांगडा द्विपक्षीय बसका घेतल्यो. विदेश वेव्हार मंत्र्यांनी X वेल्या खूपश्या पोस्टात तांच्या बसकेविशीचो तपशील शेअर केला.

तशेच मंत्री जयशंकर हांणी आंतरराष्ट्रीय अणुऊर्जा एजन्सी - IAEA चे महासंचालक राफेल मारियानो ग्रॉसी हांचीय भेट घेतला. त्यांचे नेपाळी समपदेस्त आरझू राणा देऊबा हांची भेट घेवन तांच्यामदल्या द्विपक्षीय सहकार्याच्या वेगवेगळ्या विशयांचेर चर्चा केली जयशंकर हांणी सोशल मिडीया पोस्टात म्हळा. तीन दिसांची रायसीना संवाद - भारताची भूराजनीती आनी भू-अर्थशास्त्र हांचेविशींची मुखेल परिशद - सोमारा राष्ट्रीय राजधानी दिल्लींत सुरू जाली.

राजनाथ सिंह - ७०

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंह हांणी काल नवी दिल्लीत नेदरलँड्सचे संरक्षण मंत्री रुबेन ब्रेकेलमन्स हांचेवांगडा बसका घेतली. दोनूंय फुडा-यांनी संरक्षण, सुरक्षा, म्हायतींचे देवाणघेवाण, इंडो-पसिफिक महासागर आनी नव्या तंत्रगिज्ञानाचेर चर्चा केली. दोनूंय फुडा-यांनी जहाजबांधणी, लॉजिस्टिक्स आनी अंतरीक्ष क्षेत्रात परस्पर सहकार्याच्या शक्यतायेंचेर चर्चा केली. कृत्रिम बुद्धिमत्ता - एआय आनी संबंधित तंत्रगिज्ञान तशेच दोनूंय देशांच्या संरक्षण तंत्रगिज्ञान, संशोधन संस्था आनी संघटनांमदल्या समन्वयाच्या शक्यतांयेंचेरुंय दोनूंय फुडा-यांनी चर्चा केली. भारत नेदरलँड्सवांगडा संरक्षण भागीदारी घटमूट करपाक इत्सुक आसा, अशें संरक्षणमंत्र्यांनी सोशल मिडीया पोस्टात म्हळा.

अश्विनी वैष्णव - ७०

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी भारतीय रेल्वेक आधुनिक, कार्यक्षम आनी पर्यावरणीयनदरेतल्या शाश्वत येरादारी व्यवस्था करपाच्या सरकारची वचनबद्धताय परतून उलोवन दाखयली. भारतीय रेल्वेची आर्थिक स्थिती बरी आसा आनी सरकार तातूंत आनीक सुधारणा करपाचे काम करीत आस, अशेंय तांणी म्हळे. काल लोकसभेत रेल्वे मंत्रालयाच्या कामकाजावेल्या चर्चेक जाप दिताना ते उलयताले. देशात २०२० सावन प्रवाशांच्या भाड्यात वाढ करुंक ना आनी इतर देशांच्या तुळेत ती खूपच किफायतशीर आसा अशेंय मंत्री अश्विनी वैशणव हांणी सांगले.

मंत्री अश्विनी वैष्णव - ए आय - १३०

भारतात एआय म्हळ्यार कृत्रिम बुद्धिमत्तेच्या उदरगतीखातीर व्हड सार्वजनिक डेटासेटची उपलब्धताय महत्त्वपूर्ण थारतली अशें केंद्रीय माहिती आनी तंत्रगिज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी म्हळा. नवी दिल्लीत चलतल्या रायसीना डायलॉग २०२५ जे कार्यावळीत ते उलयताले. एआय कॉर्पस नावाचो डेटासेटचो एक व्हड

संग्रह तयार केला, तशेच हेर खूपशे भोवभाषिक डेटा स्रोत लेगित तयार केल्यात अशें ते उलयले. ग्राफिक्स प्रोसेसिंग युनिट (जीपीयू) कंप्यूट सुविधा म्हणून दिवपाचें काम सुरू आसा, सुमार 14 हजार जीपीयू पयलींच उक्तावण जाल्यात अशें तांणी सांगलें. संसदेंत बऱ्याच काळान एकठांय केल्लो जायत्या भाशांनी व्हडलो डेटासेट आशिल्ल्यान भारत एआय मिशन आनी भारतीय संसद हांचे मदीं समजीकायेची कबलात केल्या अशें तांणी सांगले. देशातल्या म्हायती तंत्रगिज्ञान उद्देगान एआयखातीर तयारी करची अशें तांणी सांगले. भारताने नवे तंत्रगिज्ञानात सतत गुंतवणूक करुन २०४७ मेरेन एआयात आघाडी घेवची अशें केंद्रीय माहिती आनी तंत्रगिज्ञान मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी सांगले.

बेंजामिन नेतान्याहू - ७०

इस्रायलचे प्रधानमंत्री बेंजामिन नेतान्याहू हांणी हमासआड परतून झूंज सुरू केल्याची पुष्टी केल्या. गाझात जाल्ल्या व्हड हवाई हल्ल्यां उपरांत चारशेपरस चड पॅलेस्टिनी नागरिकांक मरण आयल्या उपरांत तांणी ही घोषणा केली. ह्या प्रदेशात झूंज परतून पूराय ताकेन सुरू जाल्या अशें म्हळा.

राष्ट्रीय स्तरावर प्रसारित झालेल्या संदेशात, श्री नेतन्याहू हांणी इस्रायल हमासाक सोपोय ना आनी आतंकवादी गटान बंधक दवरील्या आपल्या नागरिकांना मुक्त करेना तोमेरेन ही कारवाय करतले अशी शिटकावणी दिली. अमेरिकेने इस्रायलच्या हल्ल्यांक तेको दिला.

शिवपुरी अपघात - ६०

मध्य प्रदेशांतल्या शिवपुरी जिल्हयांतल्या माता तिला धरणाचेर काल सांजवेळार भक्तांक व्हरपी बोट पलटली. बोटींत 15 जाण आशिल्ले, तातूंतले 8 जाणांक सोडयल्यात. पूण अजून सात जाण बेपत्ता आसात. राज्य आपत्ती प्रतिसाद दळ - एसडीआरएफच्या आदारान ही सोद कारवाय सुरू आसा. भक्त जुंव्यार आशिल्ल्या देवळाक भेट दिवपाक गेल्ले. ही म्हायती मेळ्ळ्या उपरांत जिल्लो दंडाधिकारी, पुलीस अधीक्षक आनी जिल्लो प्रशासनाचे हेर अधिकारी थंय पावले. ह्या अपघाताचेर मुख्यमंत्री डॉ.मोहन यादवान दुख्ख उक्तायलां.

खेलो इंडिया पॅरा गेम्स - ७०

खेलो इंडिया पॅरा गेम्स - २०२५ चे गान, शुभंकर आनी लोगोचे काल नवी दिल्लीत अनावरण केले. फाल्यासावन नवी दिल्लीत  हे खेळ सुरु जातले ते २७ मार्चमेरेन चलतले.  खेलो इंडिया उपक्रमाक लागून खेळगड्यांक एक बरी माची मेळ्ळा. ताकालागून जागतिक पावंड्यार  देशाची प्रतिष्ठा वाडतली अशें युवा वेव्हार आनी खेळा मंत्री डॉ. मनसुख मांडवीय हांणी सांगले. तांणी पॅरा इंडिया गेम्सात वाटेकार जाल्ल्या खेळगड्यांक परबी दिल्या.  खेलो इंडिया पॅरा गेम्सात १३०० परस चड  खेळगडे वाटेकार जाल्यात अशेंय तांणी सांगले.

नागपूर हिंसा - १२०

नागपूरांतली कायदो आनी सुवेवस्थेची परिस्थिती आतां नियंत्रणांत आयल्या. सोमारा रातीं जाल्ल्या हिंसाचारांत आतां मेरेन 5 केशी नोंद जाल्यात आनी 50 जाणांक अटक केल्या अशें जिल्लो पुलीस आयुक्त डॉ. रवींद्र सिंघल हांणी सांगले.

जिल्लो प्रभारी मंत्री चंद्रशेखर बावनकुळे हांणी अधिकाऱ्यां कडेन बसका घेतली आनी हिंसाचारान ग्रस्त वाठारांनी भेट दिली. ह्या हिंसाचाराक लागून मालमत्तेचें कितले लुकसाण जालां हाचें जिल्लो प्रशासन मोलावणी करीत आसा. शारांत एकचार दवरपा खातीर आनी थंयच्या लोकांक सुरक्षेची खात्री करुन दिवपाखातीर नागपूर पुलिसांनी काल रातीं संवेदनशील वाठारांनी गस्त घाली. परिस्थितीचें मुल्यांकन करून कर्फ्यू शिथील करपाचो निर्णय घेतले अशें पुलीस आयुक्त डॉ. रवींद्र सिंघल हांणी सांगले.  भारतीय नागरी सुरक्षा संहितेच्या कलम 163 खाला नागपूर शारांतल्या 11 वाठारांनी जमावबंदी लागू केल्या अशी म्हायती आमच्या खबराकारान दिल्या.

प्रधानमंत्री 110

देशाच्या इतिहासांतली एक म्हत्वाची घडणूक म्हूण महाकुंभ 2025chi नोंद जातली अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी काल लोकसभेंत सांगलें. ह्या व्हड मेळाव्यांत कोट्यानी भाविक वांटेकार जावन विविधतायेंत एकचार हे भारताचे खाशेलपण संवसारान पळयले अशें तांणी सांगलें. जेन्ना पुराय संवसार आव्हानात्मक काळांतल्यान वता तेन्ना एकचाराचें हें भव्य प्रदर्शन देशाचें सगळ्यांत व्हडलें बळगें आसा. अशे तरेचे उत्सव आमच्यो परंपरा आनी दायज सांबाळपाची आनी प्रचार करपाची भावना घटमूट करता अशें तांणी मुखार सांगलें. भारतांत जायत्यो न्हंयो आसात आनी तातूंतल्यो कांय न्हंयो धोक्यांत आसात अशें उदका संवर्धनाचे म्हत्व उक्तायतना ताणा म्हळा. महाकुंभांतल्यान ऊर्बा घेवन न्हंय ऊत्सवाचो विस्तार करपाच्या गरजेचेर तांणी भर दिलो. हाका लागून नवे पिळगेक उदक जतनायेचे म्हत्व कळटले अशें प्रधानमंत्र्यानी म्हटला.